# भलायकी मंत्र्याहस्तूकीं जीएमसी प्रकल्पात 24७ इन-हाऊस फार्मासीचे उक्तावण

ता.28 मार्च 2018
7 चैत्र 1940

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी आयज गोंय वैजकीय महाविद्यालय प्रकल्पात 24७ इन-हाऊस फार्मासीचे आमदार श्री. फ्रांसिस सिल्वेरा, आमदार श्री. आंतोनियो फर्नांडिस, वैजकीय अधिक्षक डॉ. शिवानंद बांदेकर आनी हेर वरिश्ठ डॉक्टरांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले.

ह्या फार्मासीचे वैशिश्ट्य म्हळ्यार ही फार्मासी चोवीस वरां उक्ती आसतली आनी आवश्यक सगळी तरेची वखदां उपलब्ध आसतली. तशेंच शस्त्रक्रिया उपकरणां, पुनर्वसन उत्पादनां, नेब्युलायजर्स, रक्तदाब मॉनिटर्स,ग्लुको मीटर्स, दुयेंतीच्या आवश्यकतेप्रमाण सगळे तरेचे इम्प्लांटस आनी वखदां जगातल्यान उपलब्ध करतले, अशें भलायकी मंत्र्यांन ह्यावेळार उलयताना सांगले.

उपरांत श्री. राणे हांणी जीएमसीच्या वेगवेगळ्या विभाग प्रमुखांची बसका घेवन हॉस्पिटलाचो वावर कार्यक्षम करपाच्या प्रस्नांचेर आनी स्ट्रोकासारख्या दुयेसाच्या उपचारांचेर भासाभास केली. तशेंच दांतोराखातीर भलायकीच्या मळावयल्या आधुनिक उपचार आनी तंत्रज्ञानाचेर कार्यक्रम आयोजीत करपाविशी चर्चा केली.